आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date :13/06/2025 6.30 PM

राष्ट्रीय खबरो

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज गुजरातांतल्या अहमदाबाद सिव्हिल हॉस्पिटलांत भेट दिवन एअर इंडिया विमान अपघातांत जखमी जाल्या लोकांची भेट घेतली. ह्या अपघातांतल्यान जिवीत उरिल्ल्या प्रवासी रमेश विश्वास कुमार हांचे कडेन तांणी संवाद सादलो. अपघातांत मरण आयिल्ल्या गुजराताचे आदले मुख्यमंत्री विजय रुपानी हांच्या कुटुंबाक मेळून तांणी दुख्ख उक्तायलें. उपरांत मोदीन संबंदीत अधिकाऱ्यां कडेन बसका घेतली आनी परिस्थिती आनी बचाव कार्यावळींचो नियाळ घेतलो. अहमदाबादांतल्या हवाई अपघाताक लागून पुराय देशाक धक्को बसला अशें सोशल मिडियावरवी तंणी म्हळा .अहमदाबाद सावन लंडनाक वचपी विमान काल अहमदाबाद विमानतळा लागसार कोसळ्ळे. ह्या अपघातांत 12 खलाशा सयत 241 जाणांक मरण आयलें.

मजगतीं, सध्या अहमदाबाद सरकारी हॉस्पिटलांत 32 जाणांचेर उपचार सुरू आसात आनी कांय गंभीर जखमी दुयेंती सोडल्यार हेरांची भलायकी स्थीर आसा अशी म्हायती हॉस्पिटलाचे अधीक्षक डॉ. राकेश जोशी हाणी दिली . तशेच अपघाताच्या सुवातेर गुजरात आतंकवाद विरोधी पंगडाक डिजिटल व्हिडियो रेकॉर्डर मेळळ . तशेंच न्यायालयीन तज्ञांचो पंगड बेगीनूच थंय पावतलो. अपघाता उपरांत जायते थळावे लोक बेपत्ता जाल्यात आनी तांचो सोद आनी बचावकार्य चालू आसा. अपघातांत मरण आयिल्ल्या स जाणांचीं कुडी पोस्टमार्टमा उपरांत तांच्या कुटुंबा कडेन दिल्यात अशी म्हायती आमच्या खबरकारंन दिल्या.

ह्या अपघाताक लागून संवसारभरांतल्यान दुख्ख उक्तायतात. संयुक्त राश्ट्रांचे सरचिटणीस आंतोनियो गुटेरेस अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प ब्रिटीश प्रधानमंत्री केयर स्टारमर हाणी हे घडणूके विशी दुख्ख उक्तायलां,तशेच फ्रांस, रशिया, युक्रेन, मालदीव, कॅनडा, सिंगापूर ह्या देशांच्या मुखेल्यांनीय ह्या अपघाता विशीं खोलायेन दुख्ख उक्तायलां.

ह्या अपघाताची चवकशी सुरू आसा. विमान निर्माती बोईंग कंपनी एअर इंडियाच्या संपर्कांत आसा अशें कंपनीन जारी केल्ल्या निवेदनांत म्हणलां.मजगतीं, अमेरिकेच्या राष्ट्रीय येरादारी सुरक्षीतताय मंडळाचो तपास पंगड विमान अपघाताची चवकशी करपा खातीर भारतांत पावतलो अशें सुरक्षा मंडळान सोशल मिडियाचेर दिल्ल्या संदेशांत सांगलां की, हो पंगड भारतीय अधिकाऱ्यांक तपासांत मजत करतलो.

मजगती विदेश वेव्हार मंत्री डॉ.s जयशंकर हाणी अहमदाबाद विमान अपघाता संबंदी ब्रिटीश विदेश मंत्री डेव्हिड लॅमी, पोर्तुगेज विदेश मंत्री पावलो रंगेल आनी कॅनडाची विदेश मंत्री अनिता आनंद हांचे संपर्कांत आसात अशें सांगला. तंणी हे घडणूकेविशी दुख परगटायला आनी पीडित कुटुंबांक गरजेची सगळी मदत करपाचे आश्वासन दिला . काल अहमदाबादांत जाल्ल्या विमान अपघातांत मरण आयिल्ल्या लोकां मदीं 53 ब्रिटीश नागरिक, सात पोर्तुगेज आनी एक कॅनडियन नागरिक हांचोय आस्पाव आसा.

विदेश सचीव विक्रम मिश्री हांणी नवी दिल्लींत चीनचे उपविदेश मंत्री सन वेइडोंग हांची भेट घेवून भारत-चीन द्विपक्षीय संबंदांतल्या घडणूका विशीं भासाभास केली..अर्थीक आनी वेपारी मळार परस्पर संबंद आनीक घटमूट करपाचेर बसकेंत भर दिलो. अंदूं कैलाश मानसरोवर यात्रा परतून सुरू करपाक मेळिल्ल्या सहकार्याचेर विदेश सचीवानी खोशी उक्तायली. तशेच दोनूय देशां मदीं थेट हवाई सेवा सुरू करपा खातीर बेगोबेग पावलां उबारपाविशी बसकेंत कबलात जाली अशी म्हायती विदेश मंत्रालयान दिल्या.

इराण आनी इझ्राएल हांचे मदीं हालींच्या काळांत घडिल्ल्या घडामोडीं विशीं भारतान हुस्को उक्तायलो आनी ताण उणो करपा खातीर दोनूय देशांनी संवादचो मार्ग आपणावपाक भारतान सांगलें. भारताचे दोनूय देशां कडेन लागींचे आनी इश्टागतीचे संबंद आसात आनी तांकां शक्य तितली मजत दिवपाक तयार आसा अशें मंत्रालयान सांगलें.

मजगती इझ्राएल आनी इराणांतल्या भारतीय अधिकाऱ्यांनी सादूर रावून परिस्थितीचेर नदर दवरपाचो सल्ला भारतीय दूतावासान दिला . इझ्राएलान इराणाचेर केल्ल्या हल्ल्या उपरांत हो सल्ला जारी केला अशें दूतावासान सोशल मिडियावरवी म्हणलां. दोनूय देशांतल्या भारतीय नागरिकांनी गरजे भायर प्रवास टाळचें, सुरक्षीत सुवातेलागीं रावचें आनी फुडले सुचोवणेखातीर दूतावासाच्या सोशल मिडियाचेर नदर दवरपाचें आवाहन दूतावासान केलां.

इतले मजगती ह्या हल्ल्याक लागून तशेंच अस्तंत आशियांत वाडिल्ल्या तणावाक लागून कच्च्या तेलाची पुरवण खंडीत जावपाची भिरांत आशिल्ल्यान आंतरराष्ट्रीय बाजारांत आयज कच्च्या तेलाचे मोल दर बॅरलाक चार डॉलरानी वाडले . फाटल्या पांच म्हयन्यांत कच्च्या तेलाच्या मोलात जाल्ली ही सगळयांत व्हडली वाड आसा

भारतिय हवामान खात्यान राजस्थान, पंजाब आनी हरियाणाच्या कांय वाठारांनी उश्णतायेच्या ल्हारांखातीर रेड अलर्ट आनी दिल्लींत उश्णताय ल्हारां खातीर ऑरेंज अलर्टजारी केला. मजगती फुडल्या 24 वरांत कर्नाटक, केरळ, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, गोंय आनी महाराष्ट्रांतल्या काय सुवातिनी पावस पडपाची शिटकावणी हवामान खात्यान दिल्या. तशेच वराक 60 ते 70 किलोमीटर वेगान वारें व्हांवतलें अशीय शिटकावणी दिल्या.

भारतीय ग्रॅण्डमास्टर अभिजीत गुप्ता हाणी 21व्या दिल्ली आंतरराष्ट्रीय ओपन ग्रॅण्डमास्टर्स बुध्दिबळ सर्तींच्या 9 व्या फेरयेंत बेलारूसीच्या जीएम मिहैल निकितेन्कोचेर जैत जोडले

भारतीय कनिश्ट बायलां हॉकीं पंगडान यजमान बेल्जियम पंगडाचेर 3आड 2 अशी मात करून युरोप भोंवडेंत सेगीत तिसरे जैत मेळयलें. भारताचो फुडलो खेळ ऑस्ट्रेलिये आड जातलो

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.